# <u>ऊर्जा बचत जागृताय मोबायल व्हॅनीचे उक्तावण</u>

ता. 22 डिसेंबर 2021

वीजमंत्री श्री. निलेश काब्राल हांणी काल हांगा वीज खात्यान आयोजीत कार्यक्रमात ऊर्जा बचत करपाविशीं जागृताय करपाच्या मोबायल व्हॅनीचे उक्तावण केले.

ह्यावेळार उलयताना श्री. काब्राल हांणी वीज गिरायकांनी वीज बिलांच्या पैशांचो खर्च कमी करपा खातीर आनी पर्यावरणाचो सांबाळ करपा खातीर वीज बचत करपाची गरज उक्तायली. ऊर्जा बचतीविशीं जागृताय करपा खातीर खात्यावतीन अनेक कार्यक्रम आनी सर्तींचे आयोजन करपात येता. ही मोबायल व्हॅन प्रत्येक तालुक्यात मुळावी शाळो आनी माध्यमिक/उच्च माध्यमिक शाळांनी वचून उर्जा बचतीविशीं जागृताय करतले, अशें तांणी सांगलें.

ह्या वेळार वीज खात्यान आयोजीत केल्ल्या पेंटिंग आनी प्रस्नमंजूशा सर्तीच्या जैतवंतांक इनामां भेटयली.

वीज सचीव श्री. अरूण कुमार मिश्रा आनी वीज खात्याचे अधिकारी उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/1076

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji